**नवी दिल्लीत स्टार्टअप का महाकुंभात गोंयाक 5 *पुरस्कार***

ता. 2 जुलय 2024

आंतरराष्ट्रीय कन्व्हेन्शन सेंटर, यशोभूमी, नवी दिल्ली हांगा आयोजीत भारतातल्या सगळ्यात व्हड अशा स्टार्टअप महाकुंभाच्या चौथ्या आवृत्तीचो नुकतोच समारोप जालो. उद्येग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालयाच्या जोड पालवान स्टार्टअप कार्यक्रमाचे आयोजन केल्ले. ह्या कार्यक्रमाच्या आयोजकां वांगडा भागीदारी करून गोंयान आपल्या MSME स्टार्टअप्स आनी आप मजत गटांक आपली कुशळटाय दाखोवपाची संद उपलब्ध करून दिली.

स्टार्टअप का महाकुंभात गोंयान पाच पुरस्कार मेळयले . बूटस्ट्रॅप्ड स्टार्टअप ऑफ द इयर: लाटंबार्शे ब्रेव्हर्स प्रा. ली., मिडिया टॅक स्टार्टअप ऑफ द इयर: कोडरिक्स सोल्युशन प्रा. ली., बेस्ट व्हेस्ट रिडक्शन स्टार्टअप- स्वच्छाई टेक्नोलॉजी प्रा. लिमिटेड, ड्रोन तंत्रज्ञानाचेर सर्वोत्कृश्ट इनोव्हेशन: स्पेशियलक्राफ्ट आनी MSME स्टार्टअप सपोर्टर: व्हायब्रंट गोवा फाउंडेशन हांका पुरस्कार फावो जाले.

पुराय भारतातल्यान 250 परस चड स्टार्टअप्सांनी महाकुंभात वाटो घेतिल्लो. ह्या कार्यक्रमातल्यान दूरदर्शी, गुंतवणूकदार आनी उद्येजकांक एक उत्कृश्ट व्यासपीठ उपलब्ध जाले. 'स्वयंपूर्ण गोंय' दालनातल्यान गोंयच्या आप मजत गटांच्या उत्पादनांचे प्रदर्शन केले. तशेंच व्हायब्रंट गोवा फाऊंडेशनान प्रदर्शीत केल्ल्या 'अमेझिंग गोवा ग्लोबल समिट आनी एक्स्पो' क भरपूर प्रतिसाद मेळ्ळो.

गोंय सरकारान ह्या कार्यक्रमा खातीर राज्य भागीदार म्हणून काम केले. उद्येगमंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो हांणी ह्या कार्यक्रमाक उपस्थित रावन गोंयच्या विकासा खातीर सरकाराकडल्यान स्टार्टअप उधेगांक सगळ्या तरेन मदत करपात येता, अशें सांगले.

उद्येग संचालक ईग्ना क्लीटस, IAS हांणी थळाव्या उद्देजकांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर सरकार कटीबद्द आशिल्ल्याचे सांगले.
म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/277

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.